23

ुळसीदास

कणी भाषा संस्थान कोचीन-25

1981

तुळसीदास

तुळसीदास

बरोवपी :

प्रोफ़ेसर आर० के० राव, एम० ए०,
के० अनन्त भट, 'कोविद', 'गीता विशारद'

कोंकणी भाषा संस्थान, कोचीन.

मोल : रु. 1 50 पै.

Konkani Language Institute Book Series, No. 2

TULSIDAS

(Biography in Konkani)

Authors :

R. K. Rao, M. A.
K. Anantha Bhat, 'Kovid', 'Geetha Visarad'.

Ist Edition, January, 1976.

Printed at:

Hindi Prachar Press,
Ernakulam, Cochin-682016.

Price: **Rs. 1/50.**

Publishers:

Konkani Language Institute,
Karnakodam, Cochin-682 025.

Copy right Reserved.

*भ ज न

असलो कोण जगांत उदारु,
सेवा विना तो राकता रामु हरता दुःखाचो भारु.

म्हस्त कष्टानी मोक्षागति ती मेळना म्हर्षि जनाक,
दित्ता शबरी-जटायूंक ती लेकून ऊणे मनाक.

मस्तकां धा अर्पून मेळ्ळेली रावणागेली लंका,
विभीषणाक ती दित्ताना रामाक ऊणे म्हळ्ळेली शंका.

तुळसीदासु सांगता मना ! तुका जायवे सुखाची राशी,
भजन कर तूं श्रीरामाचें, मेळतलें सुख अविनाशी.

(विनयपत्रिका)

---

*आकाशवाणी धारवाड केंद्राच्या कृपेन.

दोन उतरां

कोंकणी भासेंत साहित्य ऊणे. म्हंतांगेलें जीवीत संबन्धी साहित्य कोंकणींत मेळुंक अपरूब. चेरडूवांलो सभाव चन्दायेन वाडौन हाडचे खातीर म्हंतांगेलीं जीवचरित्रां सांगून शिकौन दिवंची गरज आसा. देखून कोंकणी लोकांक दुसरे भासेंतल्या साहित्याचेर तेंकुका जावन आसा. इतर भासेन सांगून दिल्या पासि मातृ-भासेन (आवय भासेन) सांगल्यार भुरग्यांचेर व्हड प्रभाव पडता. कोंकणी भासेचांक हें जायना म्हळ्ळेली तांगेली व्हड दुरगति. ही स्थिति सुधारचे खातीर प्रयत्न करचें एक एक कोंकण्यालें करतव्य. हें मनांत लेकून बरोप्यानी हें पुस्तक बरयलां.

संत तुळसीदासानी आपणालें काव्य रामचरितमानस रचून चारशीं वरसां जाल्यांत. समस्त भारत ही 'चतुश्शताब्दी' खुशीयेन मनैता. कोंकण जनांय ह्या अपरूब परबांत भाग घेवो—ह्या इच्छेन आमी सहज, सुगम आनी सरळ जावनु, मातृभास कोंकणींत हें पुस्तक उजवाडां हाडतात.

—उजवाडावपी.

जीवचरित्र

भारत देवांगेली जल्म भूंय. देवानी मनीश्या रूपान अवतार घेवनु नानाप्रकाराची लीला हांगा दाखयल्या. जेन्ना अधर्म वाडून धर्माक हानि जाता तेन्ना दुष्टांक संहार करून शिष्टांक राकून धर्म स्थापन करचे खातीर परमात्मा अवतार धेवनु येता—अशी हिन्दु जनां विश्वास करतात. भारत पावन, पवित्र देश. भारत आत्माच्या उन्नतीक म्हत्व दिता.

रामायण—हें नांव आयकनातिल्लो भारतीय ना. रामायण भारतांतलो भो प्राचीन आनी प्रसिद्ध काव्य ग्रन्थु. संस्कृत भासेच्या ह्या ग्रन्थाचो रचौपी म्हाकवि वाल्मीकि रुशि. 'रामचरितमानस' हिन्दी भासेचो रामायण ग्रन्थु. भक्तकवि तुळसीदासानी हो ग्रन्थु रचला. उत्तर भारतांत खोंपियां थाकून रावळरां परान ह्या

ग्रन्थाचो प्रचार आसा. वेद, उपनिषद, पुराण, भगवद्गीता—हांचेवरि रामचरितमानस ग्रन्थुय हिन्दु जनांगेलो धर्माचो पवित्र ग्रन्थु. ह्या ग्रन्था रचौपी भक्त व संत कवि तुळसीदासाचेर हिन्दी उलौपी लोक भारी श्रद्धा आनी आदर दवरतात. रुशि-मुनींक दिवंचो आदर तुळसीदासाक दितात.

प्राचीन कालाक म्हंतांगेलीं जीवीतां बरौन राकची चाल ना आशिल्ली. देखून हांगेलें जीवीता चरित्र कांय जाणजावुंक कष्ट. जाल्यार तुळसीदासाच्या जीवीता पासून मेळचे दोन भो परने ग्रन्थ आसात. एक पुस्तक 'गोसाईं चरित'—तागेल शिष्यु बाबा वेणी माधवदासानी बरयलेलें; दुसरें पुस्तक तुळसीदासाचे उपरांत म्हात्मा रघुवरदास—हांणी बरयलेलें 'तुलसी चरित'. ह्या ग्रन्थां साकून आनी तुळसीदासानी बरयलेल्या काव्य ग्रन्थांतल्या ह्या संबन्धी सुचौण्यां थाकूनय मेळच्या तुळसी वृत्तान्ताक आधार करनु कवि तुळसीदासालें जीवीत हांगा दितात.

तुळसीदासाजो जल्मु विक्रम वरस 1554 म्हण लेकतात. जाल्यार ह्या पासून अभिप्राय एक न्हय. विक्रम वरस 1589 क (क्रिस्तांव वरस 1533 क) तुळसीदास जल्मलो—अशी कांय जनांगेलो अभिप्राय आसा. उत्तर प्रदेशांत प्रयागेच्या लागी बान्दा जिलांत राजापुर एक गांव. हांगा तुळसीदास जल्मलो. तागेलो बापूस आत्माराम दुबे आनी आवसु हुलसी. तागेलो जल्म ब्राह्मण कुलांत, हांत दुभाव ना. जल्म दीस मूळ नक्षत्र. मूळ नक्षत्राक चेरडुं जल्मल्यार चेरडाच्या आवस-बापूस—हांकां भो वायट—अशी जनांगेलो विश्वास.

देखून तांणी चेरडाक सोळ्ळें (सोडलें)—अशी सांगतात. तुळसीदासाल्या चेरडु पिरायेर माय-बाप मरण पावलीं; चेरडुं अनाथ जालें—अशीय सांगतात. कसलेंय आसो, तुळसीदास सान पिरायेर अनाथ जालो. तागेलें भुरगेपण भो कष्टांत आशिल्लें. पोट भरचे खातीर ताका घरान-घर भोवनु मागून खावंका जातालें. अशी आसताना, ताका बरौंचाक—शिकचाक जायत कशी ? जगत जननी पारवतीक त्या चेरडार दया दिसून एक बायले वेषान ताजे लागी येवनु ताका आपणाल्या हातांनी जेवयताली म्हण सांगतात.

तुळसीदासान अशी-तशी भोवंत आसताना एक संत बाबा नरहरिदास ताका पळयतलो जालो. तांणें तुळसीदासाक 'ब्रह्मदण्डु' दीवून आपणालो शिष्यु करनु ताका सोरो अथवा सूकर क्षेत्रांत आसताना श्री रामचंद्राली कथा आयकयली. त्या वेळ साकून तुळसीदासाच्या मनांत श्री रामचन्द्राचेर स्नेह, श्रद्धा आनी भक्ति वाडून आयली.

चेरडु-पिरायेर तुळसीदासलें नांव रामबोला आशिल्लें. ह्या खातीर एक किंवदन्ति आसा. तुळसीदास जल्मल्या वेळा रडचे बदलेक 'राम' म्हळ्ळें खंय. देखून तागेलें नांव रामबोला जालें. गुरु नरहरिदासांनी हें नांव परतून 'तुळसीदास' नामकरण केलें. ह्या नांवांक प्रचार मेळ्ळो. तुळसीदासानी आपणाल्या काव्यांत सर्वत्र हेंच नांव प्रयोग केलां. तांणी बाबा नरहरिदासांलागी रावून शिकून वेद, शास्त्र, पुराण इत्यादींचें ज्ञान प्राप्त केलें. नंतर काशीचो म्हा विद्वांश 'शेषसनातन'—हांचे लागी नेमतकीत विद्याभ्यास केलो.

सुमार पंधरा वरसांक विद्याभ्यास करून स्वयं व्हड विद्वांश जावनु थंय थाकून आपणाल्या गावांत परतून आयलो.

नंतर विक्रम वरस 1583 क तुळसीदासानी भारद्वाज गोत्राची दीनबन्धु पाठकाली धूव रत्नावली हिका व्हरडीक केली. रत्नावली-चेर ताका भारी मोग आशिल्लो. एक घडियेक सरि बायलेक सोणु (सोडून) रावचें ताजान जायना आशिल्लें. एक दीस ती गेली बायल ताणें नेणतां आपणाल्या कुळाराक गेली. तुळसीदासाक पत्नी वियोग सहन जायनी. तागेल्या गावांलागी एक न्हंय आशिल्ली. त्या न्हंयचे पेलतडि रत्नावलीच्या बापालो गांव. पावसकाल, न्हंयंत उदक भरनु आशिल्लें. काळकी रात. त्या कळकांत न्हंयंतल्यान पोवनु पेलतडि सरनु तुळसीदास बायलेल घरकडे पावलो. आपणाल बामणालो हो मोग पळवनु तिका लज्जा आनी कोप आयलो. कविता रचुंक तिका कळताली. बामणाल्या मोगाक धिक्कार सांगून तिणे ताका अशी समझायलो :—

लज्जा दिसनावे तुमकां,
आयले लागी धावून,
धिक्कार असले मोगाक,
तुमी नाथ जावून,
अस्थि चर्ममय देह म्हाजें,
ताजेर असली प्रीति,
रामांत ही आसल्यार,
जायशना ती भवभीति.

बायलेगेलीं हीं उतरां तुळसीदासाल मनाक भाल समान लागलीं. 'आज थाकून तूं मागेली बायल न्हय, गुरु जाली'. अशी सांगून ताणें तिका नमस्कार केलो. तुरंत मनांत वैराग्य आनी श्री रामचन्द्राचेर प्रगाढ भक्ति उपजली. ताणें घर-दार सरवय सोणु थंय थाकून प्रयागेंत येवनु सन्यासालो वेष स्वीकार केलो. त्यानंतर काशीं गेलो. सगळे भारतांत तीर्थजात्रेक तो भायर सरलो. त्या वेळा विद्वांश, साधु, संत, सज्जन—हांगेलो सतसंग आनी सहवास तुळसीदासाक मेळनु आपणागेलें ज्ञान वाडोंचाक तुळसीदासाक साध्य जालें. अशी घा-वीस वर्षांक तीर्थाटन कोरनु (करून) तो काशींत परतून आयलो. थंय विक्रम बरस 1631 क ताणें आपणालें लोक-प्रसिद्ध म्हाकाव्य 'रामचरितमानस' रचुंक प्रारंभ केलें. हें काव्य रचून पुरतें करुंक दोन वरसां, सात मास सवीस (सोवीस) दीस लागले—म्हणतात. विक्रमवरस 1633 क मार्गशीर्ष मासाच्या शुक्ल पक्षांत रामविवाहाचे दिसा सातय काण्डां रचून जाले म्हण सांगतात. काव्याचो स्वल्प भाग ताणें अयोध्येंत बरैलो आनी बाकी उरललो भाग वापस काशीं येवनु थंय रावून पुरतो केलो म्हणय सांगतात.

तुळसीदास संस्कृताचो व्हड विद्वांश. संस्कृतांत काव्य रचूचे बदलेक ताणें हिंदींत हें काव्य कित्याक निर्माण केल्लें, आयकात.

काशींत प्रह्लाद घाटाकडे एक ब्राह्मणाल्या घरकडे तुळसीदास रावतालो. थंय तागेल्या मनांत कवित्वशक्ति जागी जाली. संस्कृत भासेंत रामायण काव्य रचुंक प्रारंभ केलें. जाल्यार ताणें दिसाक

वरौंचीं पदां रात्रींत अदृश्य जातालीं. सात दिसांक अशी जालें. आटव दिसा तुळसीदासाक एक सपन पळ्ळें (पडलें). सपनांत म्हादेवान अशी आदेश दिल्लो—'तूं आपणाल्या भासेंत काव्य निर्माण कर'. हें आयकून तुळसीदास जागो जालो. म्हादेव आनी पार्वति ताजे मुखार प्रत्यक्ष जाल्यांत—हें ताणें देखलें. तुळसीदासान तांकां साष्टांग नमस्कार केल्लो. म्हादेवान ताका सांगलें "तुळसी ! तूं अयोध्येंत वचून राव आनी हिंदींत काव्य निर्माण कर. मागेल्या आशीर्वादान आनी अनुग्रहान तुगेलें हें काव्य सामवेदाचे समान सुफल प्रदान करतलें. सरवय जनांक तें मान्य जातलें". नंतर तीं दोगंय अंतरधान जालीं. ह्या प्रमाणीं म्हादेवाल्या आज्ञेक अनुसरण जावनु तुळसीदासान हिन्दी भासेंत रामायण बरयलें, म्हण सांगतात.

तुळसीदासांनी निर्माण केल्लेल्या रामकाव्याक 'रामचरितमानस' म्हणतात. हें तुळसीदासांचें सर्वश्रेष्ठ काव्य. ह्या काव्याक सात काण्डां आसात—बालकाण्ड, अयोध्याकाण्ड. अरण्यकाण्ड, किष्किन्धाकाण्ड, सुन्दरकाण्ड, लंकाकाण्ड आनी उत्तर काण्ड.

तुळसीदास श्री रामचंद्राचो व्हड भक्त. ताका श्री रामाचें दर्शन मेळ्ळें. हाजेपासून भक्तजनां अशी सांगतात :—

तुळसीदास काशींत आपणाचे रामकाव्य वाचून सांगतालो. थंय एक दीस ताणें एक प्रेताक देखलें. त्या प्रेतान ताका हनमंताचो पत्तो कळैलो. हनमंताचें दर्शन जावंचाक, हनमंतान ताका सांगलें—

'तुका चित्रकूटा कडेन रामचन्द्रालें दर्शन मेळतलें'. हें आयकून— तुळसीदास चित्रकूटाकडे गेलो.

चित्रकूटार पावनु ताणें 'रामघाट' स्थानार बैसून श्रीरामाचें ध्यान धरलें. एक दीस तुळसीदास थंय भोवंता आसताना मागीर ताका श्री रामाचें दर्शन मेळ्लें. धणु-बाण धरलेले दोन राजकुमार घोड्यां फाटीर बैसून वताले. हें तुळसीदासान देखलें. जाल्यार तो तांकां वळखलोना. उपरांत ते राम-लक्षिमण आशिल्ले म्हण हनमंतान येवनु ताका सांगचाक व्हड पश्चात्ताप जालो. हनमंतान ताका आश्वास दिल्लो—'तूं मनांत दुःख पावनाका. फाय सकाळि तुका वापस दर्शन मेळतलें'. हेरदीसा (हेरदूसा) पांच वरसांचे चेरडा रूपान श्री रामचंद्र तुळसीदासाचे मुखार आयलो. तेदाणा (तेन्ना) तुळसीदास गान्द झरेयतालो. रामचन्द्रान तुळसीदासालागी निमगीलें—'मामा, माका गांद दी'. आतां तुळसीदासाक फटवण पडुंक नज म्हण हनमंतान कीराचें रूपान रुक्का खांद्यार बैसून म्हळ्लें—

चित्रकूटाचे घाटाचेर
आयला श्री रघुनंदन,
तुळसीदास तो गान्द घश्टता
रामु निमगिता चंदन.

श्री रामचंद्रालें अद्भुत सौंदर्य पळौन तुळसीदास आपणाक विसरनु रावतलो जालो. श्री रामचन्द्रान आपणाल्या हातान गांद

काणु (काडून) स्वयं तोळो केलो आनी आपणाल्या परम भक्तु तुळसीदासाच्या निडळारीय तोळो करून अन्तर्धान जालो.

तुळसीदासाल्या रामायणाक काशींतल्या पंडित लोकानी आरंभाक म्हस्त विरोध केलो. जाल्यार क्रमान हो विरोध शांत जावनु रामचरितमानस तांकां मान्य जालें. रामचरितमानसा पसावत तुळसीदासालें नांव धूरा धूरा गावांत प्रसिद्ध जालें. सर्वत्र तागेली कीर्ति भरली. मुगळ चक्रवर्ति अकबराचे दरबारी राजा टोडरमल, म्हाकवि रहीम आनी राजा मानसिंह तुळलीदासाले मित्र जाले.

श्री मधुसूदन सरस्वती त्या कालाचो प्रसिद्ध पंडित आनी विद्वांश. रामचरितमानस पळोकां म्हण दुसर्या पंडितानी तांकां प्रेरण दिल्ली. तांणी तें काव्य पळोन व्हड प्रशंसा केल्ली आनी हें प्रमाणपत्र बरयलें :—

आनन्दकानने ह्यस्मिञ्जंगमस्तुलसीतरुः ।
कविता मञ्जरी भाति राम भ्रमर भूषिता ।।

म्हळ्यार

ह्या काशी रूपी आनंदवनांत तुळसीदास भोवंचें—चलचें तुळसी झाड. हाजी कविता रूपी मंजरी सुंदर आसा; ताजेर श्री राम रूपी भंवर सदा सर्वदा रावून आसा.

तुळसीदास काशींत असी घाटाचेर रावतालो. एक दीस रात्रिकालाक कलियुग मूर्तिरूपान येवनु तुळसीदासाक त्रास दिवंचाक लागलें. तुळसीदासान तुरंत हनमंताचें ध्यान केलें. हनमंतान ताका

विनयांचीं पदां रचुंक प्रेरण दिल्ली. तुळसीदासान विनयांचीं पदां 'विनय पत्रिका' रचून श्री रामाक समर्पण केलीं. श्री रामचन्द्रान तीं स्वीकार करनु तुळसीदासाक वांचेयलो.

विक्रम वरस 1664 क तुळसीदासाक वातरोगु आयलो. हात-पायांक दूकि, सर्वांगाक फोड येवनु दुक्की सहन जायना. त्या वेळार हनमंताक स्तुति करनु स्तोत्रां रचलीं. हींच 'हनुमान बाहुक'. हांचान तुळसीदासलो रोगु सोणु (सोडून) गेलो आनी तांकां स्वास्थ्य मेळ्ळें—अशी सांगतात.

अशी सुमार वरसांक श्री रामचन्द्राचेर मन दीवनु तागेले गुण गायन करून विक्रम वरस 1680 (क्रिस्तांव वरस 1624) च्या श्रावण मासांत तुळसीदासान आपणालें भौतिक शरीर सोळ्ळें (सोडलें).

तुळसीदासांगेले काव्यग्रन्थ

तुळसीदासानी जायते काव्यग्रन्थ बरेल्यात. जाल्यार प्रामाणिक मानचे बारा ग्रन्थ आसात. स ग्रन्थ व्हड आनी स ग्रन्थ सान. रामचरितमानस, विनयपत्रिका, दोहावली, कवितावली, गीतावली आनी रामाज्ञा–प्रश्न—हे व्हड काव्यग्रन्थ. श्रीकृष्ण गीतावली, राम–लला–नहछू, वैराग्य–संदीपनी, बरवैरामायण, पार्वतीमंगल आनी जानकी मंगल—हे सान काव्यग्रन्थ. ह्या बारा ग्रन्थांत णव ग्रन्थ अवधी भासेंत आनी तीन ग्रन्थ (विनय-पत्रिका, कवितावली, आनी कृष्णगीतावली) ब्रज भासेंत बरयल्यात.

रामचरितमानस

तुळसीदासानी रचल्लें रामचरितमानस म्हाकाव्य हिन्दी साहित्यांत मात्र न्हय संसारांतल्या साहित्यांत उत्तम काव्य आसा हाका हें नांव कशी मेळ्ळें ? आयकात.

आदिकालाक म्हादेवान हें रामायण रचून आपणाल्या मनांत दवरलेलें. योग्य वेळ पावंचाक आपणाली बायल पार्वतीक सांगलें आपणाल्या मनांतले रामायण—अशी लेकून म्हादेवान खुशीन ताका रामचरितमानस नांव दवरलें. मानस म्हळ्यार 'मन'. मनांतले रामायण रामचरितमानस.

तुळसीदासानी रामचरितमानस रचलें. हें रामचरित सर्वांग सुन्दर काव्य. हाका उत्तम काव्याचीं सरव लक्षणांय आसात. हें काव्य वाचप्यांक साहित्याच्या सर्व रसांचेय आस्वादन करेयता. काव्यकलेच्या दृष्टींत हें सर्वश्रेष्ठ म्हाकाव्य. ह्या ग्रन्थांत गिरेस्थ जीवीत, राजधर्म, कुटुम्ब जीवीत, पतिव्रताधर्म, भ्रातृधर्म—हांचे आदर्श आनी भक्ति, ज्ञान, त्याग, वैराग्य, सदाचार इत्यादि मानव-धर्माचीं तत्वां चन्द भासेन वर्णन केल्यांत. मनीश्यावतार घेवनु आयल्या परमात्माली लीला, गुण, रहस्य—हांचें प्रतिपादन ह्या ग्रन्थांत सरळ, सुन्दर भासेन केलां. गरीब-श्रीमंत, शिकिल्ले-शिकनातिल्ले, गिरस्थ-सन्यासी, बायलो-दादले, चेरडुवां-म्हालगडे —सर्वय श्रद्धेन-भक्तीन रामचरितमानस पारायण करनु आनंद पावंतात; जनां मदें भक्ति, ज्ञान, नीति आनी सदाचार—हांको प्रचार मेळनु धर्माची उन्नति जाता.

रामचरितमानस आशीर्वाद दिवंचो ग्रन्थु. हाजें पारायण केल्यार लौकिक आनी पारमार्थिक कायरीं जातात, अशी जनांगेलो विश्वास आनी तशीच अनभव. रामायण श्रद्धेन भक्तीन पारायण केल्यार 'होइहहि रामचरित अनुरागी' अशी फल सांगलां—म्हळ्यार श्रीरामचन्द्राल्या चरणांचेर अनुराग (प्रेम–भक्ति) जातलो. भक्तीन मुक्ति अथवा मोक्षु मेळचाकय सुलभ जातलें.

हें रामचरितमानस वैष्णव आनी शैव–दोन प्रकारांचे भक्तांकय मेळैता. श्रीराम म्हादेवालो आराधना मूर्ति, तशीच म्हादेव श्रीरामालो इष्टदेव.

श्रीराम सांगता :—

> "म्हादेवाले भक्त माजे लागी द्रोह करतले
> आनी मागेले भक्त म्हादेवाक द्रोह करतले–
> तसले मनीश एक कल्पकाल पर्यन्त घोर
> नरकांत वास करतले."

आतां हांगा रामचरितमानसांतले कांय पदांचें कोंकणी भासांतर करून दितात :—

1 जाणून जग सर्व सीताराम,
हाथ जोडून हांव करतां प्रणाम.

बालकाण्ड

2 रामनामाचो श्रेष्ठ दीवो तो, जीभेस्थानार लाय,
तुळसी सांगता भायर-भीतर तरी तुका उजवाड जाय.

बालकाण्ड

3 रामनाम नरशींह तो हिरण्यकशिप कलिकालु,
जपतले पिरळादावरि राकतलो दीनदयालु.

बालकाण्ड

x x x x

4 अति विचित्र ती रामकथा जाणतले केवल ज्ञानी,
मनांत वेगळें लेकतले ते मानव अज्ञानी.

बालकाण्ड

x x x x

5 मुनि धीर योगी सिद्ध संतत
विमल ध्यान जे करतले,
नेति म्हणु ते वेद, शांस्त्रां
कीर्ति पावन म्हणतले.
तो रामु व्यापक ब्रह्म म्हणचो
ब्रह्माण्डाचो नाथु तो,
अवतारु घेतलो भक्तां खातिर
रक्षणाचो हाथु तो.

बालकाण्ड

x x x x

6 कामधेनु वरि रामकथा सेवेन सुख दिवंची,
जाण जावनु हें संतजन सर्व कानांनी पिवंची.

बालकाण्ड

x x x x

7 तुळसी सांगता भावि जशी मेळता तसलो सहायु,
येत्ता अथवा व्हरता ती तिगेले दिकारि पायु.

बालकाण्ड

x x x x

8 हरि प्रकट तो जालो दीनदयालू
कौसल्येचो नंदन,
जननी सुख पावली मुनिमन हारी
अद्भुत रामाक वंदन.
लोचन अभिरामु तो हरि घनश्यामु तो
हातांत आयुध धारी,
भूषण वनमाला सुन्दर दोळे
शोभासिन्धु खरारी.

बालकाण्ड

x x x x

9 हाथ जोणु म्हणता कौसल्या
स्तुति कशी करतली हांव,
वेद पुराणयं शास्त्रंय म्हणतात
अनंत तुगेलें नांव.
करुणा सुख सागरु सर्वगुणांचो
वेद गायन करतात,
मेगेले खातिर प्रकट तो जाल्लो
मुनि जें ध्यान धरतात.

बालकाण्ड

x x x x

10 प्रत्येक रोमेंत आस ब्रह्माण्ड
वेदवाणि ही सांगता,
माजे पोटांत राबलो तो म्हणु आयकून
विवेकु हालचाक लागता.
जेन्ना मनांत ज्ञान उप्जलें
तेन्ना देवु तो हासता,
समझावनु काणी सांगूनु तिका
पुत्र प्रेमान घासता.

बालकाण्ड

x x x x

11 बुद्धि ती हालली आवमु हें म्हणता
सोडि पुता हें रूप,
दाखै शिशु लीला अति प्रिय शीला
हें सुख भारी अप्रूब.
वचन हें आयकून रायु देवांगेलो
चेरडुं जावनु तो रडता,
चरित हें म्हणचो मोक्षु पावंता
भव न्हंयिचे पार पडता.

बालकाण्ड

x x x x

12 विप्र, धेनु, सुर संतांक राकचो घेतलो नर अवतारु,
निज इच्छेचें देह ताजे हरता भुंयचो भारु.

बालकाण्ड

x x x x

13 कंकण पयंजळां शब्दु तो आयकून,
लक्ष्मणाक सांगता रामु हें लेकून.
दिसता मदनान भेरियेर मारलो,
मनांत विश्वविजय तो विचारलो.

बालकाण्ड

x x x x

14 सप्नांत रायु भिखारि जाता दुर्बळो स्वर्ग-भर्तारु,
जागल्यार लाभुय नष्टय ना तशीच प्रपंच विचारु.

अयोध्याकाण्ड

x x x x

15 पद कमलां धूवनु हीं कूलि नात्तिलें
हांव पेल्तडि व्हरतलों,
रामु आनी दशरथाचें
हांव शपथ हें करतलों.
बाणु मारो लक्ष्मणागेलो
व्हड ना म्हणु सांगतलों,
पाय धुल्ले सिवाय व्हरना
तुळसिदासु हें मागतलो.

अयोध्यांकाण्ड

x x x x

16 पाय धूवनु जल पीवनु तें केवटु आनी परिवार,
पितरांक तारनु रामाक व्हेल्लो न्हंयचे पार.

अयोध्याकाण्ड

x x x x

17 खंय राबचें म्हणु निमगिता निमगूंक लज्जेता हांव,
दाकैन, तूं ना आश्शील्लें सांग त्या स्थलाचें नांव.

अयोध्याकाण्ड

x x x x

18 अर्थु, धर्मु आनी कामु नाका मोक्षुय नाका माका,
राम भक्तीचो जाय वरु विंगड कसलेंय नाका.

अयोध्याकाण्ड

x x x x

19 प्रेमु अमृत पर्वतु विरहु भरतु पयोधि गंभीरु,
गांठून केलें प्रकट तें कृपासिन्धु रघुवीरु.

आयोध्यकाण्ड

x x x x

20 हाथ, पाय, दोळ्यांवरि सेवक धन्नी तोंडाचे समान,
तुळसी प्रीतीची रीति ही करतले कवि गुण गान.

अयोध्याकाण्ड

x x x x

21 धन्नी तोंडावरी जाय तो खावंचाक पिवंचाक एकु,
सगळें आंग तो पोसतलो तुळसी सहित विवेकु.

अयोध्याकाण्ड

x x x x

22 जाति हीन पाप केल्लेले बायलेक मुक्त तो करता,
मन्दबुद्धि मुख सोदचे मना ! असले देवाक विमरता.

अरण्यकाण्ड

x x x x

23 र्त न बलवन्त दुष्ट हे कामु क्रोधु आनी लोभु,
ग्यानी मुनिले मनांक करता घडीभित्तर अतिछोभु.

x x x x अरण्यकाण्ड

24 लोभाक इच्छा दंभु बळ कामाक केवल बायल,
क्रोधाक कठोर वचन बळ मुनिंगेलें वचन विशाल.

अरण्यकाण्ड

x x x x

25 हनुमंता तो अनन्यु जो बुद्धि ही स्थिर धरता,
दासु हांव सचराचर धनिया रूप दवरता.

किष्किंधा काण्ड

x x x x

26 आयक सुग्रीवा बालीक मारतलों एकुच बाणु,
ब्रह्म रुद्रानीं राकल्यार वांचशीना ताजो प्राणु.

किष्किन्धाकाण्ड

x x x x

27 देव, भूमि, गो द्विजांचे खातिर
स्वेच्छेन प्रभु घेता अवतारु,
सगुण उपासक थंय लागि राबतात
सोणु तो मोक्ष विचारु.

किष्किन्धाकाण्ड

x x x x

28 कपि सैन्य धेवनु दुष्टांक मारनु तो
रामु सीतेक हाडतलो,
देवर्षि सुर मुनि लोक पावन
कीर्ति तो उजवाडतलो.

आयकूनु म्हणु सांगूनु समझूनु
मोक्षु ती दीवैतली,
राम चरणां भंवरु तुळसी
म्होवु ती पीवैतली.

किष्किन्धाकाण्ड

x x x x

29 भव भेषज रघुनाथ कथा आयकुचे नर आनी नारी,
तांगेले सर्व मनोरथ साध्य करता त्रिशिरारी.

किष्किन्धाकाण्ड

x x x x

30 राक्षस लोक ते पाकुट उज्जो ते रामाले बाण,
जननी मनांतु धैर्य घे राक्षस उज्याक खाण.

सुन्दरकाण्ड

x x x x

31 आवसू ! आयक मांकडांक ना बुद्धिबल अनुमानु,
राम प्रतापान गरुडाक खात्ता तो सरोपु सानु.

सुन्दरकाण्ड

x x x x

32 शरणागतांक राकतलो रामु तो दया दवर्नु,
गेल्यार शरण तो दित्तलो तुजे अपराध विमर्नु.

सुन्दरकाण्ड

x x x x

33 मोहमूल बहु दुःखप्रद सोडि तुजे अभिमान,
भजि तूं श्रीरामचन्द्राक करि ताजे गुण गान.

सुन्दरकाण्ड

x x x x

34 मांकडांक ममता बालारि तं तुमी हें जाण जायात,
तेलाचें वस्त्र गुडलावनु बालाक उज्जो लायात.

सुन्दरकाण्ड

x x x x

35 रामु सत्य संकल्प प्रभु पावंता तुका मरण,
माका दोषु लावनाका वत्तां रामाक शरण.

सुन्दरकाण्ड

x x x x

36 ज्या चरणांचीं पादुकां भरतु तो मनांतु धरता,
चरणं तीं हांव पळैतलों आत्तं मुकारि सरता.

सुन्दरकाण्ड

x x x x

37 शरणागताक जे सोडतले आपणाक अहित लेकून,
ते नर पामर पापमय पाप तं तांकां देखून.

सुन्दरकाण्ड

x x x x

38 कीर्ति ती आयकून आयलों हरता तूं भव रोग,
रामा ! राक दुख हरतल्या ! दिवंचो तूं सुख भोग.

सुन्दरकाण्ड

x x x x

39 तेन्ना परयंत सुख ना जीवाक सपनांत सुदां विश्राम,
जेन्ना परयंत भजना रामाक सोण शोकाचो काम.

सुन्दरकाण्ड

x x x x

40 सगुण उपासक परहित करनु नीति दृढ नेमु,
ते नर मागेले प्राण सम कोणाक की द्विज पद प्रेमु.

सुन्दरकाण्ड

x x x x

41 शिवान रावणाक दिल्लेली जी
धा मातीं अर्पण करनु,
विभीषणाक दिल्ली ती सम्पत्ति
रामान संकोचु धरनु.

सुन्दरकाण्ड

x x x x

42 रामप्रतापान पोवलें तें समुद्रांत पाषाण,
रामु सोणु देवु भजतलो पामरु कसलें जाण.

लंकाकाण्ड

x x x x

43 *भिन्न भिन्न स्तुति करनु देव ते चमकले निज धामाक,
गायक वेषान वेद आयले मेळळे ते श्रीरामाक.

उत्तरकाण्ड

x x x x

44 वळखून वेदांक आदरु केलो रामान अति प्रेमान,
रहस्य कोणांकय कळना, वेद करतात गुण गान.

उत्तरकाण्ड

x x x x

---

* आकाशवाणी धारवाड केंद्राच्या कृपेन. (43—49)

45 जय सगुण निरगुण रूप
अनुपम रूप भूप शिरोमणे,
दशकंधरादि प्रचंड राक्षस
दुष्ट संहारले म्हणे.
संसार भारु तो हरण केल्लोलो
सुखद नर अवतारु हो,
भक्तवत्सल राम-सीता
सतत जय जयकारु हो.

उत्तरकाण्ड

x x x x

46 देवदानव नाग नर तुजे मायेचे वश रावतले,
भवसागरांत ते भोवनु पोवनु गुण कर्मांक लांबतले.
करनु तुगेली कृपादृष्टि त्रिविधदुःख तूं हरतलो,
रामचन्द्रा ! राक आमकां दुःख नाशु तूं करतलो.

उत्तरकाण्ड

x x x x

47 व्यर्थ मान मदांत पोणु जे
तुगेली भक्ति विसरतले,
पळयले ते उच्च स्थान मेळनुय
खालचे लोकांत परतले.
विश्वासु करनु जे सोणु आशा
दास तुगेले जाल्लेले,
नांव तुगेलें जपुनु ते भव-
न्हंयचे पेलतडि घाल्लेले.

उत्तरकाण्ड

x x x x

48 ब्रह्मादि वंदित चरण धूळि तीं
लावनु अहल्या तारलेली,
पूज्य तुजे नांकटांत थावन
भायर गंगा सरलेली.
ध्वज, कमल अंकित चरणं हीं
वन-कष्ट करनी विचारु,
चरणांक तुगेले नित्य रामा
आमगेलो नमस्कारु.

x x x x उत्तरकाण्ड

49 ब्रह्म अज अद्वैत म्हणु मन
दीवनु ध्यान जे करतले,
ते म्हणचे समझचे, आसो रामा
सगुण यश आमी म्हणतले.
करुणायतन प्रभु रामचन्द्रा!
होचि वरु आमी मागतले,
चरणारि तुगेले भक्ति दी तूं
हेंचि सादर सांगतले.

x x x x उत्तरकाण्ड

50 पर हित समान धर्मु मेळशि ना,
पर पीडे वरी पापय जायशि ना.

x x x x उत्तरकाण्ड

51 कामीक कशीकी बायलेर प्रीति
लोभीक कशीकी दामु,
तशीच नित्य निरंतर
प्रिय लागो माका रामु.

उत्तरकाण्ड

तुळसीदास

आर० के० राव,
के० अनन्त भट

मोल : 1 रु. 50 पै.

चेरडूवांलो सभाव चन्दायेन वाडौन हाडचे खातीर म्हंतांगेलीं जीवचरित्रां सांगून शिकौन दिवंची गरज आसा. तीं इतर भासेन सांगून दिल्या पासि मातृ-भासेन सांगल्यार भुरग्यांचेर व्हड प्रभाव पडता. हें मनांत लेकून पुस्तकाच्या प्रारंभार सहज, सुगम, आनी सरळ कोकणींत भक्त कवि तुळसीदासालें जीव-चरित्रय आनी मागीर तांगेल्या काव्य ग्रन्थ रामचरितमानसांतल्या कांय पदांचें कोंकणी भासांतरय दिलां.

Sole Distributors :

PAICO

PAI & COMPANY

Broadway ERNAKULAM | Mount Road MADRAS | M. G. Road TRIVANDRUM | Kallai Road CALICUT